31st March 2026 7.25am

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या

रश्मी

पणजी म्हापालिकाच्या नगरसेवकांनी रोहित मोनसेराताक महापौर आनी वसंत अग्निशकार हांका उप महापौर म्हणून बिन विरोध वेंचून काडल्यात. सीसीपींतल्या सगल्या नव्यान वेंचून आयिल्ल्या नगरसेवकांची ह्या वेंचणुके उपरांत, काल सोपूत घेवपाची प्रक्रीया जाली. पणजेच्या उदरगतीखातीर आपुण काम करतलो, अशे ह्यावेळार रोहीत मोन्सेरात हांणी म्हणला. ह्यानफुडे आपुण विधानसभा वेंचणुक लढोवपाक इत्सुक आसा, अशे रोहीत हाणी जाहीर केले.

महेश

1 एप्रील सावन जनगणना 2027चो पयलो टप्पो सुरू करपी, देशांतल्या पयल्या राज्यां मदीं गोंय आसतलें. ह्या टप्प्या खाला 15 एप्रील मेरेन 'स्व - गणना'ची सुविधा मेळटली. ते उपरांत, 16 एप्रील ते 15 मे मेरेन घरांची वळेरी तयार करपाचें आनी घरांची जनगणना करपाचें काम सुरू जातलें. नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना भारताचे महानिबंधक आनी जनगणना आयुक्त मृत्युंजय कुमार नारायण हांणी सांगलें, की ही भारताची पयली पुरायपणान डिजिटल जनगणना आसतली. घरोघर सर्वेक्षण सुरु करचे पयलीं लेगीत, गोंयच्या रहिवाशांनी सुरक्षीत पोर्टला वरवीं 16 भाशांतल्या खंयच्याय भाशांनी आपली म्हायती ऑनलायन सादर करु येता. मोबायल ॲप्लिकेशनांचो वापर करून जनगणनेचे काम करपी कर्मचारी म्हायती एकठांय करतले. अधिकाऱ्यांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण 'जनगणना कायदो, 1948' खाला चालीक लायिल्ल्या हे प्रक्रियेच्या माहितीच्या सुरक्षे खातीर, खूब घटमूट उपाय येवजण केल्या.

रश्मी/गणेश

सावर्डे मतदारसंघालो प्रस्तावित मिराबाग बंधारो प्रकल्प जावचो ना, अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी थळाव्या मिराबाग प्रकल्पाक विरोध करपी नागरीकांक दीले. ह्या आस्वासना उपरांत 49 दीस चलील्ले आंदोलन, काल आंदोलन-कारांनी फाटी घेतला. काल दनपारां ह्या प्रकल्पाक विरोध करपी आंदोलनकारांनी मुखेलमंत्र्याची भेट घेतली. ह्या प्रकल्पाच्या फायलीक टिप्पणी घालून बंद करतलों, अशें आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान संबंधितांक दीले.

मिराबाग बंधारो प्रकल्प पुरायपणान रद्द करप, उदकास्तोत्र खात्यान खणून काडिल्ले दोन उदकान भरिल्ले खड्डे मूळ स्थितींत हाडप, 4.5 कोटी हॉटमिक्सिंग रस्त्याचें काम पुराय करप, अर्थसंकल्पीय अधिवेशनांत विधानसभेत निशेध केल्ल्यान, अटक केल्ल्या चार निदर्शकां आड केशी फाटीं घेवप, अशीं सगळ्यो मुखेल मागण्यो मुखेलमंत्र्यानी मान्य केल्यात, अशी म्हायती मिराबाग प्रकल्पाक विरोध करपी आंदोलन कारांनी दील्या.

फोंडा इलेकशन

फोंड्या जावंपी पोटवेंचणुकेची तयारी म्हत्वाच्या मार्गदर्शक तत्वाचेर पावल्या. दक्षिण गोंय खातीर जिल्लो दंडाधिकारी आनी जिल्लो वेंचणूक अधिकारी मतदान कर्मचाऱ्यांखातीर, रेंडो-मायझेशनची दुसरी फेरी येसस्वीपणान पुराय जाल्ल्याची घोशणा, दक्षिण गोयच्यो जिल्हाधिकारी एग्ना क्लिटस हाणी केली. फोंडा पोटवेंचणुक मतदानाच्या दोन दिस आधी तिसरी रेंडो-मायझेशनची फेरी जातली, अशे ताणी सांगले. ह्या वेचणूकेत ४२ केंद्राचेर मतदान जातले. त्या खातीर ५२ पंगड तयार केल्यात. वट्ट २७० कर्मचाऱ्यांचो वापर ते खातीर करतले, अशी माहिती क्लिटस हाणी दिली.

गणेश

बर्च बाय रोमियो लेन क्लबांत, सोरो विक्री अबकारी खात्याचो, उत्पादन शुल्क परवानो मेळोवपा खातीर भलायकी केंद्राचो बनावट भलायकी दाखलो तयार केल्ल्या प्रकरणांत, म्हापशें पुलिसांनी क्लबाचे धनी गौरव लुथरा आनी सौरभ लुथरा हांकां अटक केली.

फाटल्या शुक्रारा म्हापशें अतिरिक्त जिल्लो आनी सत्र न्यायालयान दोगूय दुबावितांचो अटकपूर्व जामीन अर्ज, भायर मारिल्लो. हाका लागून तांचे अटकेचो मार्ग मेकळो जाल्लो. सोमारा ३० मार्चाक म्हापशें पुलिसांक दुबावीत लुथरा भावांक अटक करपाची परवानगी, न्यायालयान दिली. दनपरां तांकां पुलिसांनी कोलवाळ बंदखणींतल्यान ताब्यांत घेतले आनी अटक केली. कांदोळी मुळाव्या भलायकी केंद्र अधिकाऱ्यान, म्हापशें पुलिशेंत बनावट एनओसी विशीं कागाळ दाखल केल्ली.

महेश

राज्यभर तापमान वाडत आशिल्ल्यान दक्षिण गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणान, भौशीक सुरक्षेचो म्हत्वाचो सल्लो जारी केला. सगल्या नागरिकांनी सध्याच्या उश्णताय ल्हारां पासून स्वताची राखण करपा खातीर, बेगोबेग जतनाय घेवची, अशें आवाहन आसा, जाका लागून उश्णतायेचो त्रास जावचो ना. सादूर रावचें, हायड्रेटेड रावचें आनी सुरक्षीत रावचें.

डेस्क

पणजी जिमखाना मेम्बर्स लीग किंग्स पगडान, सलग चवथे फावट रमाकांत वेर्णेकर करंडक क्रिकेट सर्त जिंकून, मडगाव क्रिकेट क्लब लीग सुपर स्टार्स पंगडाक हारायले.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.3 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 24.8 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार